**भारतीय रॅडक्रॉस संस्थेची वर्सुकीं बसका जाली**

ता. 22 डिसेंबर 2021

भारतीय रॅडक्रॉस संस्थेची वर्सुकीं सर्वसादारण बसका आयज राजभवनार राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांच्या अध्यक्षतेखाला जाली.

बसकेत उलयताना राज्यपालान मानव सेवेखातीर म्हान मानवतावादीन भारतीय रॅडक्रॉस संस्थेची स्थापणूक केली. ह्या संस्थेवतीन गरजवंताक सहकार्य आनी मदत दिवपात येता. संस्थेवतीन विशेशांगी लोकांक व्हीलचेर, आयकुपाक येवपाची साधना आनी हेर आवश्यक साधनां दिवपाचे सदचें काम करपा वांगडाच आपत्तीच्या वेळारय मदतीचे काम करपात येता. लोकांनी भारतीय रॅडक्रॉस संस्थेच्या मानवी हिताच्या सेवेक सहकार्य करपाक जाय. राजभवना वतीन संस्थेच्या कार्याक सदाच सहकार्य आनी आदार आसतलो, अशें राज्यपालान सांगलें.

भारतीय रॅडक्रॉस संस्थेच्या गोंय शाखेचे अध्यक्ष श्री. गौरिष धोंड हांणी संस्थेचो वर्सुकीं अहवाल वाचलो. उपाध्यक्ष श्री. मांगिरीश पै रायकर हांणी फाटल्या बसकेचो नियाळ वाचलो. खजिनदार श्री. मारियो पिंटो द सांतान हांणी संस्थेचो लेखा अहवाल वाचलो.

सुरवातीक राज्यपालान भारतीय रॅडक्रॉस संस्थेचे संस्थापक फा. जिन हेनरी दुरांत हांच्या फोटवाक फुलांहार घातलो. तशेंच तांणी संस्थेच्या वर्सुकी प्रशासकीय अहवाल 2020-2021 चे प्रकाशन केले आनी भारतीय रॅडक्रॉस संस्थेच्या गोंय शाखेचे अध्यक्ष श्री. गौरिष धोंड हांचे कडेन अर्थीक मदतीचो धनादेश सुपूर्द केलो.

श्रीमती सुवर्णा फोन्सेका हांणी बसकेचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1079

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji